२५.०९.२०२५        सकाळी ७.२५ वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग

प्रादेशिक खबरो

बरी भलायकी हीच खरी व्हड गिरेस्तकाय. आपली भलायकी बरी उरची म्हण प्रत्येकान स्वतच्या कुडीची बरी कुयदात घेवपाक जाय.व्यायाम ,योगा,Walking , तशेंच हेर कवायतीतल्यान निरोगी रावपाक जाय अशे मत कळंगुटचे आमदार मायकल लोबो हांणी व्यक्त केला. कांदोळे लायन्स क्लब कार्यालयात आयज स्वस्थ नारी सशक्त परीवार भलायकी शीबीर जाले.त्यावेळार ते उलयताले. बायलां सदाच तांच्या कामानी busy आसतात, मात busy lifestyle सयत बरी भलायकी आसप महत्वाचे जांवन आसा.ते खातीर सरकारान घडोवन हाडील्ले स्वस्थ नारी सशक्त परीवारासारख्या भलायकी शीबीरांचो लाव ताणी घेवचो अशे आवाहन ह्यावेळार मायकल लोबो हांणी केला.  Byte- Michael Lobo

ह्या शीबीरात गोडेमुत, ब्लड प्रेशर, cervical, oral and breast cancer, pap smear  तशेंच दाताची तपासणी, आनी हेर भलायकेच्यो चांचण्यो जाल्यो. Byte - Dr Roshan Nazareth

पर्पल फेस्टाच्या फांटभुयेंर १०० वयर वेगवेगळ्य कार्वळींचें आयोजन ह्या महोत्सवादरम्यान केल्या अशी म्हायती समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दिल्या. जाल्यार येता त्या १२ ओक्टोबरांक पणजे शारात inclusive run ह्या मेराथोन सर्तीचे आयोजन केला. सकाळी 6:30वराचेंर ही धावपाची मेराथोन सर्त जातली. हातुन सुमार 5 हजरापरस चड व्यक्ती वाटो घेतले . तातुंन दिव्यांग तशें हेर व्यक्ती लेगीत वाटो गेतली अशी म्हायती मंत्री फळदेसाय हांणी दिल्या.3, 5, आनी 7 किलो मीटर ह्या अंतराच्यो हयो धावपाच्य सर्ती आसतल्यो. Byte

स्वस्थ नारी सशक्त परिवार खाला आयुषमान आरोग्य मंदिर गावणे हांणी महात्मा गांधी सेन्टनरी विद्यालयांत बायलां खातीर भलायकी शिबिर घडोवन हाडलें. ह्या शिबिरांत बायलां खातीर वेगवेगळीं चांचण्यो केल्ल्यो. उंचाय, वजन, नियमित रगतांतली साकर, हिमोग्लोबीन,  ॲनीमिया चांचणी आदी तज्ञ दोतोरांनी तपासली, तशेंच मानसीक दुयेंस, क्षयरोग, कॅन्सर, एड्स, कुश्ठरोग अशा जायत्या दुयेंसांचेर भलायकेक उपेगी पडपी म्हायतीची तपासणी केली. दुयेंसा प्रमाण चांचणी करून दुयेंतिक वखदां दिली.

गोंयच्या बायलां आनी भुरगीं उदरगत खात्याक “आंगनबाडी सेवां वरवीं भुरग्यांचें पोशण सुदारप” ह्या विशयांतल्या यत्नांक लागून प्रतिश्ठीत SKOCH गोल्ड ॲवॉर्ड 2025 मेळ्ळा. बायलां आनी बाल विकास मंत्री विश्वजीत राणे हांणी बिरेस्तारा सांगलें, ही मान्यताय गोंय खातीर एक अभिमानाची खीण आनी भलायकेन बरी आनी बळिश्ट पिळगी उबारपाची राज्याची वचनबद्धताय दाखयता.दरेका भुरग्याक चड बरे पोशण आनी काळजी वरवीं जिणेंत योग्य सुरवात मेळची हे खातीर आमच्या अखंड यत्नांची ही मान्यताय एक गवाय अशें राणे हांणी म्हळा.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 28.7 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 24.5 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता

कलंगुट असोसियेशनान गोवा प्रोफेशनल लीग फुटबॉल सरतीच्या मोहिमेक शानदार सुरवात करताना कुठाळी विलेजरसाचेर 3 आड 0 फरकान जैत मेळयले.